09-07-2025

सकाळी : 8.40

राष्ट्रीय खबरापत्र

मुखेल खबरो :

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फुडल्या पांच वर्सांत ब्राझीला कडेन आशिल्लो वेपार सध्याच्या 12.2 ट्रिलियन डॉलरांतल्यान 20 अरब डॉलर मेरेन वाडोवपाचें दवरले मोख.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका ब्राजीलाचो सर्वोच्च सन्मान नॅशनल ऑर्डर ऑफ ड सदर्न क्रॉस ह्या पुरस्कारान केले भौंवमानीत.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तांच्या पाच देशांच्या दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यत आयज नामिबियातल्या विंडहोकाक भेट दितले.

- सरकारी शाळांनी स्मार्ट क्लासरूम बांदपा खातीर दिल्ली सरकारान 900 कोटी परस चड रुपयांची मान्यताय दिल्या.

- स्पेनात चलतल्या तिरंदाजी संवसारीक कप सर्तीत , ऋषभ यादव आनी ज्योती सुरेखा वेन्नम हांच्या बेसाबऱ्या खेळाक लागून भारताने वैयक्तिक आनी सांघिक ह्या दोनूय सर्तीत जैत मेळोवन भारताक पयल्या सुवातेर दवरले.

पीएम - नामिबिया - 80

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी तांच्या पाच देशांच्या दौऱ्याच्या निमण्या  पावंड्यत आयज नामिबियातल्या विंडहोकाक  भेट दितले. राष्ट्रपती नेतुम्बो नंदी-नदैतवाह हांच्या आपोवणेवेल्यान प्रधानमंत्री मोदी हांचो  नामिबियाचो हो पयलो आनी भारताच्या खंयच्याय  प्रधानमंत्र्यांचो  हो  तिसरो  दौरो  आसा.

ह्या भेटीवेळार, नामिबियावांगडा  आर्थिक भागीदारी वाडोवपाखातीर  दोनूय देशांमदी प्रतिनिधीमंडळ पावंडयार  चर्चा जातली . ऊर्जा सुरक्षा, भलायकी  आनी  वखदा निर्मिती क्षेत्रात सहकार्य वाडोवपाखातीर  दोनूंय  देशांमदी  कबलात जावपाची शक्यताय  आसा. नामिबिया  प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदीं हांका  तांच्या सर्वोच्च नागरी पुरस्कारान भोवमानित करतले .प्रधानमंत्री  मोदी नामिबियाच्या संसदेत  लेगित उलोवप करतले.

प्रधानमंत्री-

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी आनी  ब्राझीलचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासियो लुला दा सिल्वा ह्या दोघांनीय  तांच्या अर्थव्यवस्थेत कृषी क्षेत्राचे  महत्त्वाचे योगदान मान्य केला अशे विदेश मंत्रालयाचे  सचिव पी. कुमारन हाणी सांगले. श्री कुमारन ब्राझीलियात  सांगले की, प्रधानमंत्र्यानी वेगवेगळ्या  क्षेत्रात ज्ञान, सर्वोत्तम पद्धती आनी  तंत्रगीज्ञान हस्तांतरणात सहकार्य वाडोवपाचो  प्रस्ताव मांडला. दोन्ही वटेन डिजिटायझेशन आनी  डिजिटल भौशीक मुळाव्यो  सुविधांच्या क्षेत्रात सहकार्याचेर लेगित  चर्चा झाली. याशिवाय, क्रीडा, क्रीडा व्यवस्थापन, क्षमता निर्माण आणि जनसंपर्क वाढविण्यासाठी सहकार्यावरही भर देण्यात आला.

दोनूय देशां मदीं तीन कबलाती जाल्यात. तातूंत आंतरराश्ट्रीय आतंकवाद आनी आंतरराश्ट्रीय संघटीत गुन्यांवांक आडावपाखातीर सहकार्याचे कबलाती आनी नवीकरणीय उर्जेच्या मळार सहकार्याचो तातूंत आस्पाव जाता.

स्मार्ट क्लासरूम - 70

सरकारी शाळांनी स्मार्ट क्लासरूम बांदपा खातीर दिल्ली सरकारान 900 कोटी परस चड रुपयांची मान्यताय दिल्या. दिल्लींत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावपाकय मान्यताय मेळ्ळया.

दिल्ली शिक्षण मंत्री आशीष सूद हांणी सांगलें, व्यापक डिजिटल वर्ग विस्तार येवजणे खाला 75 मुखामंत्री श्री विद्यालयांनी दोन हजार 446 स्मार्ट ब्लॅकबोर्ड बसयतले. तशेंच 9 ते 12 व्या वर्गा खातीर 18 हजार णवशें 66 अतिरिक्त स्मार्ट वर्ग बांदपाक मान्यताय दिल्या.हाका लागून 2029-30 मेरेन दिल्ली सरकारी शाळांनी स्मार्ट वर्गांची संख्या 21 हजारां परस चड जातली.

प्रधानमंत्री-ब्राझील - 200

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  फुडल्या पांच वर्सांत ब्राझीला कडेन आशिल्लो वेपार सध्याच्या 12.2 ट्रिलियन डॉलरांतल्यान 20 अरब  डॉलर मेरेन वाडोवपाचें मोख दवरलां. तशेंच दोनूय देशांनी मर्कोसूर वेपार कराराचो व्याप्ती वाडोवन चड भारतीय उत्पादनांचो आस्पाव करपाक आनी भारतीय निर्यातदारांक व्हड बाजारपेठ मेळोवन दिवपाचें मान्य केलां.

मर्कोसूर ही प्रादेशिक वेपार संघटना आसून तातूंत  ब्राझील, आर्जेन्टिना, पॅराग्वे आनी उरुग्वे  हांचो आस्पाव जाता.

श्री मोदी हांणी भारता प्रमाण ब्राझीलांत डिजिटल फारीकणी खातीर युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस (यूपीआय) सुरू करपाक सहकार्याची घोशणा केली. अन्न प्रक्रिया आनी अंतरिक्ष तंत्रगिन्यानाच्या मळार दोनूय देशां मदीं सहकार वाडोवपाची खूब शक्यताय आसा अशें तांणी सांगलें.

भारताच्या उण्या मोलाच्या वखदां खातीर ब्राझीलाची बाजारपेठ आनीक उक्ती करपाच्या  कल्पनेक  ब्राझीलाच्या राष्ट्राध्यक्षान येवकार दिल्या अशें विदेश मंत्रालयांचे सचीव पेरियासामी कुमारन हांणी सांगलें. भारतीय वेवसायीक आनी पर्यटकांक व्हिसा उदार करपाचेरूय चर्चा जाली. भारतीय वखदां कंपनींक ब्राझीलांत केंद्रां स्थापन करपा खातीर आपोवपाची कल्पना ब्राझीलाच्या अध्यक्षान येवकार दिल्या अशें श्री कुमारन हांणी सांगलें. भारतांतल्यान गुंतवणूक करपाक मेळची वा ब्राझीलाची मोलादीक खनिज संपत्ती वापरपा खातीर जोड  उद्देग स्थापन करपाच्या कल्पनेविशी   लेगित  दोनूय वटांनी चर्चा जाली.

हे बसकेंत तीन कबलाती जाल्यात अशें श्री कुमारन हांणी सांगलें. तातूंत इथेनॉल मिश्र इंधन आनी नवीकरणीय उर्जा सयत जैव इंधन आनी आतंकवाद आनी आंतरराश्ट्रीय वेपाराविशीं गुप्तचर म्हायतीचो आदान-प्रदान हांचो आस्पाव जाता. शेतकी संशोधन, गुप्त म्हायती दिवप-घेवप आनी बौध्दिक मालमत्ता वेवस्थेचेरूय तीन कबलाती जाल्यात अशें श्री कुमारन हांणी सांगलें.

संरक्षण मुखेली - 60

चीन-पाकिस्तान आनी बांगलादेश हांचे मदीं परस्पर हितसंबंद आयले जाल्यार भारताचे स्थिरताय आनी सुरक्षेचेर गंभीर परिणाम जावंक शकता अशें संरक्षण मुखेली जनरल अनिल चौहान हांणी सांगलां.

हिंद म्हासागराच्या वाठारांतल्या देशांतल्या अर्थीक अडचणींक लागून भायल्या सत्तेक आपलो प्रभाव वाडोवपाची संद मेळ्ळ्या अशें जनरल चौहान हांणी ऑब्जर्व्हर रिसर्च फावंडेशनाच्या कार्यावळींत सांगलें, हो भारता खातीर संवेदनशील विशय आसा अशेय ताणी म्हळा.

विम्बल्डन - 40

विम्बल्डन सर्तीत, संवसारातले नंबर वन टेनिस खेळगडे बेलारूसची आर्यना सबालेन्का हिणे जर्मनीच्या लॉरा सिगमंडाक हारोवन बायलांच्या एकोड्या उपांत्य फेरीयेत पावल घाले. आयज उपांत्य फेरीत सबालेन्का अमेरिकन खेळगडे अमांडा अनिसिमोवा आड खेळताले. अनिसिमोवान रशियाच्या अनास्तासिया पाव्ल्युचेनकोवाक हारोवन उपांत्य फेरीयेत पावल घाल्ले.

तिरंदाजी संवसारीक कप सर्तीत - 60

स्पेनात चलतल्या तिरंदाजी संवसारीक कप सर्तीत , ऋषभ यादव आनी ज्योती सुरेखा वेन्नम हांच्या बेसाबऱ्या खेळाक लागून भारताने वैयक्तिक आनी सांघिक ह्या दोनूय सर्तीत जैत मेळोवन भारताक पयल्या सुवातेर दवरले.

ऋषभ यादवान दाडल्यांच्या कंपाऊंड पात्रताय फेरीत ७१६ गुणांसयत पयली सुवात मेळयली .

ज्योती सुरेखा वेन्नमान बायलांच्या कंपाऊंड सर्तीत ७१५ गुणांसयत पयली सुवात मेळयली .

**J&K- AMARNATH YATR 150**

अमरनाथ यात्रेच्या पयल्या स दिसांत अमरनाथजी लेण्यांत दर्शन करपी भक्तांची वट्ट संख्या एक लाख 11 हजारां वयर जाल्या. काल 18 हजारां वयर यात्रेकरुंनी पवित्र दर्शन केलें. यात्रेविशी प्रतिक्रिया दितना जम्मू-काश्मीराचे उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हांणी ही म्हायती दिली.

पहलगाम आनी बाल्टाल ह्या दोनूय मार्गांचेर ही यात्रा सुरळीतपणान चालू आसा आनी फुडल्या कांय दिसांत आनीक भक्त येवपाची शक्यताय आसा अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री सिन्हा हाणी सांगले.

मजगतीं, खर सुरक्षा वेवस्थे खाला 7579 यात्रेकरुंचो आनीक एक गट , म्हणल्यार जम्मूतल्यान 8वो गट, आयज सकाळीं भगवती नगर यात्री निवास बेस कॅम्पांतल्यान काश्मीर देगणांत अमरनाथ यात्रेखातीर भायर सरलो. आयज सकाळीं यात्रेकरु 302 वाहनांवरवी बेस कॅम्पांतल्यान भायर सरले. ह्या पंगडांत 5719 दादले, 1577 बायलो, 40 भुरगीं, 167 साधू & 76 साध्वी आसात.

तातूंतले 3031 यात्रेकरू फातोडेर 3:25 वरांचेर बाल्टाल बेस कॅम्पाक आनी 4548 फातोडेर 3:40 वरांचेर पहलगाम बेस कॅम्पाक वचपाक भायर सरले आनी थंयच्यान ते पवित्र लेण्यांत फुडलो प्रवास करतले.

India Meteorological Department 75

भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश आनी विदर्भ ह्या वाठारानी कांय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण गुजरात, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड वाठारानी पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा. देशाच्या उत्तर उदेंत आनी दक्षिण भागांतय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

तशेंच दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, भितुल्ले कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, सौराष्ट्र, कच्छ आनी तमिळनाडू ह्या नेटान वारें व्हावपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

धर्मेंद्र प्रधान 85

काल मेरठांतल्या सरदार वल्लभभाई पटेल कृशी विश्वविद्यालयांत कृशी तंत्रज्ञान नवनिर्माण केंद्राचें उक्तावण शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाँच्या हस्तुकी जाले. शेतकारांक उद्देजक करपाचेर सरकार लक्ष केंद्रीत करता अशें तांणी सांगलें. शेतकारांची येणावळ दुपेटीन वाडोवपा खातीर आनी वाजिब दर सुनिश्चीत करपा खातीर यंत्रीक बुध्दीमत्ता वापरपाक भारतीय तंत्रज्ञान संस्था-रोपाराची भुमिका म्हत्वाची थारल्या अशें तांणी सांगलें. शेतकार केंद्रीत संशोधन आनी स्टार्टअपांक चालना दिवपा खातीर विद्यापिठांत कुशळटाय विकास केंद्र स्थापन करतले अशेंय मंत्री प्रधान हांणी जाहीर केलें.केंद्रीय मंत्री जयंत चौधरी आनी सूर्य प्रताप शाही हे ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.